# राष्ट्रीय वयोश्री येवजणेखाला 1500 लावधारकांक जीणे आदाराची उपकरणां भेटयली

ता.11 डिसेंबर 2017
20 मार्गशीर्ष 1939

दिव्यांग कायदो 2016 च्या अंमलबजावणी उपरांत दिव्यांग व्यक्तींक शाळां, महाविद्यालयांनी प्रवेश घेवपाक तशेंच सरकारी येवजणांचो कायदेशीर लाव मेळपाक मदत जातली अशें समाज कल्याणमंत्री श्री. पांडुरंग मडकयकार हांणी सांगलें.

श्री. मडकयकार काल साखळेच्या रविंद्र भवनात राष्ट्रीय वयोश्री येवजणेखाला बीपीएल वर्गातल्या ज्येश्ठ नागरीकांक जीणे आदाराची उपकरणां भेटोवपाच्या कार्यावळीत उलयताले.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. प्रमोद सावंत हांणी कार्यावळीचें मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना आयच्या काळात भुरग्यांकडल्यान आपल्या ज्येश्ठ पालकांकडेन दुर्लक्ष जाता. भुरगीं आपल्या जाण्टया पालकांची काळजी घेवपाक सोदीनात आनी आपली जबाबदारी विसरतात, अशें सांगलें. तशेंच तांणी ज्येश्ठ नागरिकांच्या मदतीखातीर राष्ट्रीय वयोश्री येवजण सुरू केल्लेखातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचें अभिनंदन करून ज्येश्ठ नागरीकांनी सरकारान सुरू केल्ल्या वेगवेगळया येवजणांचो लाव घेवपाचो उलो मारलो.

उत्तर गोंयच्यो जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन हांणी येवकाराच्या उलोवपात उत्तर गोंयातल्या 1500 लावधारकांक वॉकिंग स्टीक, एल्बो क्रचींस, वॉकर क्रचींस, ट्रायपॉड, व्हिलचेअर, वक्लां अशीं उपकरणां मंजूर जाल्ल्याचे सांगलें.

समाज कल्याण सचिव श्री. डब्ल्यू.व्ही. रमणमूर्ती, सामाजिक न्याय आनी अधिकार विभागाचे जोड सचिव श्री. सुरेंद्र सिंग मिना, समाज कल्याण संचालक श्री.एस.व्ही.नाईक, कृत्रिम पांय निर्माण महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री.डी.के.सरीन कार्यावळीक हजर आशिल्ले.

श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यावळीचे सूत्रसंचालन केले आनी श्री.एस.व्ही.नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.